# माई

कविता



- सरस्वती दामोदर नायक, सांकवाळ

आशावादी प्रकाशनाचें डिजिटल पुस्तक

# माई

## सरस्वती दा. नाय्काच्यो कविता

**आशावादी प्रकाशनाचें डिजिटल पुस्तक**

**Mai** - *A collection of Konkani poems written by **Saraswati Damodar Naik**, edited by **Valley Quadros** and digitally published by Ashawadi Prakashan.*

(C) ASHAWADI PRAKASHAN

First Edition : 2022 (Digital)
Copyright : Author
Cover : Enigma Creations, Goa
Layout : Enigma Creations, Goa
Pages : 52 + 2

For communication **Email**: ashawadi@gmail.com
**WhatsApp**: 7021967880

# सुरवेचीं उतरां

माई ही म्हजी आवय. ह्या ई-बुकाक तिचें नांव दिवप म्हाका समर्पक दिसलें. कारण म्हज्या पुराय व्यक्तिमत्वाची बुन्यादूच मुळांत माईच्या संस्कारा खातीर घडल्या. तिची जिणे कडेन पळोवपाची वृत्ती म्हाकाय समाजा कडेन पळोवपाची एक नवी नदर दिवन गेली.

आपूण रावता त्या समाजांतल्या लोकांची सुखदुखां, तांचे उमाळे, उत्फर्के समजून घेवन ताका वाचा फोडपाक जाय हाची जाणीव मनाक जाणवत रावली, काळीज मंथन जायत रावलें आनी घडत रावली साहित्य निर्मिणी.

माईन म्हज्या मना भितर साहित्याचो रोंपो लायलो. तो दिशीदिशी वाडत गेलो चंवरत गेलो आनी ताका कवितेचीं फुलां आयलीं.

कान-दोळे उक्ते दवरून केल्लें समाजाचें वाचन, काळजाचे साणीर झरोवन आयिल्ल्या उतरांचें तें गंध ई-बुकांत मांडपाची जापसालदारी आशावादी प्रकाशनान घेतली म्हणून हांव तांचें खूब उपकारी.

आतां माई तुमकां समर्पीत.

**सरस्वती नायक**

# सरस्वती दामोदर नायक



बी.कोम पद्वेचेचें शिकप जोडल्ली बाय सरस्वती दामोदर नायक गोंयच्या कोंकणी नेमाळ्यांनी कविता बरयता. 'मुक्तरंग' हिचो पर्गट जल्लो कविताजमो. बाळ साहित्याचे च्यार बूक हिणे पर्गट केल्यात. २०१३ इस्वेंत कोंकणी भाशा मंडळ थावन बाळ साहित्याचेर पुरसकार हिका लाभला. हेर साहितीक स्पर्ध्यांनी सयत हिणें इनामां आपणायल्यांत.

# धिन्वास तुमकां

आशावादी प्रकाशनाच्या डिजिटल मिसांवाक पाटिंबो दिलेल्या तुमकां समेस्तांक काळजामनाचे धिन्वास



- मानेस्त रोनालड कोलासो, दुभाय
- मानेस्त फेलिक्स लोबो, खतार
- मानेस्त मायकल डी'सोज, दुभाय
- मानेस्तीण मोनिका डे'सा मथायस, डबलीन
- मानेस्तीण मागदलेन बारबोज आनी कुटम, शीरवां
- मानेस्त रोनालड मोंतेरो, कटपाडी
- मानेस्तीण लिनेट डी'सोज, मुंबय
- मानेस्त स्टेनरो, अजेकार
- मानेस्त उदय म्हांबरो, गोंय
- मानेस्त कॉनी डि'कोस्ता आनि कुटाम, नवी मुंबई
- एक अभिमानी

# उदिक

उदिक कसो  दुडू व्हावयता
व्हावय बापया, पैसो तुजोच
तुका जाब विचारपी कोण ?

उदिक कसो सोरो व्हावयता
व्हावय बापया, सोरो तुज्याच दुड्वांचो
तुका  आडोवपी कोण?

 पूण,
म्हणून तू धुमशेण घालू नाका
उदिक कशें मात उदकाचो थेंबूय
वारोव  नाका
तुका सैमाचो आतंक
खबर ना

दुडू ना, सोरो ना
तुका व्हडलो फरक पडचो ना
मतीन दवर
उदका विणे तुं मात  जितो
उरचो ना

म्हणून म्हंटा,
उदिक कसो  दुडू व्हावयता
व्हावय बापया
उदिक कसो सोरो व्हावयता
व्हावय बापया
पूण उदिक जपूनच
वापर सायबा
ताच्या प्रत्येक थेंबार
तुज्या म्हज्या अस्तित्वाची
बुनयाद थारल्या

# इतिहास

स्वातंत्र्य मेळोवपा खातीर
जालीं कितली झूजां
पेटले कितले संवसार
आनी व्हावली कितलीं रक्तां
हिशोबच ना

पूण इतिहासाच्या पानार
जीं उरलीं थोडीं  बलिदानां
तांचेय कर्तुत्व तागडेन मेजप चललां
तांच्या मत भेदांचे भांडवल करीत
तांचोय इतिहास फासप पुसप चलला
तांच्या स्वार्थ त्यागाक
अविश्वासाचो  रंग दित
इतिहासाची पानां
पिजप चललां

घायाळ भारताचो
नवो बुचकाळलेलो इतिहास
नवे  पिळगेच्या आत्मविश्वासाक
डळमळीत करूंक लागला
धर्माच्या नावान
फूट घालुंक लागला

हें सगळें थामोंवक जाय
'वंदे मातरम' म्हणत
भारताचो इतिहास आपल्या रक्तान
बरोवप्यांक तांचे स्थान
तांचो मान मेळूंकच जाय
भारत मातेच्या मुकूटार
हीं नकेत्रां लिकलिकपाकच जाय

# इत्सा

म्हज्या मरणा उपरांत
म्हजी कूड म्हज्या
घराच्या कुळागरानच पूरची
इत्सा पर्गटायल्ली  जाणट्या बापायन

हांवे कष्ट केल्या
भांगर केलां मातयेचें
मरून लेगीत
साश्णाचो जिवो उरतलो हांव
म्हज्या कूळागरातल्या मातये पोंदा

ह्या एकुच  आशेर
एक इत्सा बाळगून काळजान
बाबडो  बापूय जांटेपण जियेता

हांवे आनीक  कष्ट केल्ले जाल्यार
म्हजे भुरगे आनीक बरी
जिण जियेपाचे
जाण्टेलो हातरुणान
कुशी परतीत
स्वताकुच शिणत दिस रात  वतरेता

पुण काकळुट बाबड्याची
तो जाण्टेलो नेणा,
न्हिदेन ताच्याच हाताचो
कष्टी आंगठो
ताच्या भुरग्यांक फितूर जाला
ताच्या कुळागराच्या कागदा ंचो
केन्नाच परकी धनी जाला

# इश्ट

सकाळ फुडे व्हाट्सअप वेल्या
गुड मॉर्निंग मेसेजींनी
जड जाल्लो स्मार्ट फोन पळोवन
तकली घुवता म्हजी,
अक्षरशा मोबायलाचो
तिटकारोचसो येता

दिसता पुसून वडोवचो
हो ॲप फोंनातल्यान
आनी मुक्त जावचें
ह्या व्यर्थ कटकटीतल्यान

पूण केन्ना केन्ना
संसाराच्या दुखण्यानी
व्यथित मनाक
एखादी अर्थपूर्ण गुड मॉर्निंग मेसेज
दिस्तुच स्वांतंनेची फुक मारता
व्यथेकडे पळोवपाक दीत
एक वेगळो दृष्टिकोन
दुख्ख करता हलके,

तेन्ना म्हजो कटकट दिसपी
होच स्मार्टफोन
जाता गुड सेंमरीटन
गर्भगळीत जीण सावरपी
एक खरो इश्ट

# उदक

हांव उदक
हांव सत्व तुज्या जिणेचे
हांव तर तू
न्हय तू तर हांव
हांवच तुजें अस्तित्व
हांव ना तर,
तुजें जगपच अशक्य

हांवूच गंगा, कावेरी, म्हादय
थेंब थेंब म्हजो वाचय
हांव मुक्त शिलवंत
म्हाका आडोवंक
तुजी झगडी नाकात
तुज्या  मोगाचे बंधनान
जखडून म्हाका वडय

# आसक्ती

किदेंय जांव, कशेंय करून आज
त्या बाबुल्याक शाळेंत पावुंकुच जाय
ना, तो भायर रागान गुरगुरपी
भिरांकुळ पिसाट वाऱ्या वाद्ळाक
मातूय भियेंना

आपली पिन्नील्ली बोत्री सतरी घेवन
चिप्प भिजून लेगित ताणे जिद्दीन
वादळाकडे झुज दिलीच
आनी मैल पैस आशिल्ले शाळेन
आपलो माणकूलो जीव व्हरून घालो

म्हणजे पोटाची भूक
भंया परस ताकतवार आसता तर?
हय तर शाळेत मेळपी उसळ आनी पाव
ताचे 'मिड डे मिल'
हीच ताची भुक भागोवपी ताकत, खरी आसक्ती

# आशावाद

मनीस आशेरुच जगता
मनशाचे आशावादी आसप केन्नाय बरेंच
आशावाद ताच्या जीणेक घटसाण हाडटा
कश्टांचेर दुखण्यांचेर विसर घालून
जीण फुलोवन प्रसन्न करता

पूण जेन्ना मनशाची आशा
हिस्पाभायर वाडटा
तिका ल्हेवटेपणाची कोमरी येवन
हापापलेपणाची फुलां फुलतात
तेन्ना कुसमेंवंक लागता ताची जीण
स्वार्थाच्या  दर्पान तकली भेरेवन
सुख लेगीत ताका तोपूंक लागता

आशावादी चितनान तळपा फुटून
शितळ वझरे घडटात
हापापलेपणान जित्या वझऱ्यांची सुकून
पाडी वाळवंटा जातात

# आयणो

गरमेच्या दिसांनी
विजज ल्हिपच्यानी
खेळटा तेन्ना
वटीर, छतार
मेजार, वग्गी घुमो कसो
बसून रावपी
आयणो पळोवन
रडूक   येता
आनी झक्कत
हातान येता
कपबडान कपड्यापोंदा
सांबाळून दवरिल्लो
आवय घरचो
लग्नान आदण
म्हणून हाडील्लो
सप्तररंगी आयणो
तेन्ना आपसूकुच
आवय घरची याद
आयण्याच्या
मंद वाऱ्यान
दरवळत
काळजा भितर
हळुच रिगता
आनी भर गरमेन
सगळी काया जाता
शितळ थंडगार

# अर्ग

कडकड, गडगड

फारफेट करीत

तांडव करपी

जोगलाच्या उजवाडान

पावसाच्या घोग्या पोंदा

चिप्प न्हावन गेलो

वर्सान वर्स भर बाजारान

अगतिक जावन पाटांगणान

कैरान उबो आशिल्लो

महात्मांचो पुतळोय बीन

पानपट्टीच्यो तांबड्यों पिचकाऱ्यो

सवण्यांच्या  विष्ठेचो लेप

झरझर करून देवत

घुवून गेलो सगळो म्हेळ

त्या शांतिदेवतेच्या पुतळ्याचो

आनी पुण्यात्म्याच्या   निर्शेल्ल्या

फातराच्या  दोळ्यानीं

कृतज्नायेचीं  दुकां

झडयलीं दडकांनी

घस्स घस्स करून

रकपी पावसाच्या

पड्ड्या आड

# अस्तुरी

मळबाक जरी
तेकयले हात तुंवे
पावलां तुजी
भुयेरुंच तिगू दी

आधुनिकतेचें वस्त्र
तुंवें पांगुरले जरी
संस्काराच्या सावलेपोंदा
लज तुजी झाकु दी

उतरां विद्वतेची
ओठार घोळटा जरी
विनयाची झालर
ताका आसू दी

करियर घडोवपाचे सपन
तुज्या दोळ्यान जरी
कृती तुजी वास्तवतेच्या
आदारारच घडू दी

हे नव युगाचे अस्तुरी
समाजाकडे अधिकाराक झगडटना
तुंय समाजाचो घटक
हाचें भान तूंका आसुदी

# आडांदी वारो

गरमेच्या ह्या दिसांनी
दनपारच्या पारार
वारो करता आडांगीपणा
उडणां मारीत सों सों धांवता
घाडी कसो
हूं हूं करून घुमत
वाटेर दिसता त्या रुखांक
केश्टांक धरून हालयता

गरमेच्या ह्या दिसांनी
दनपारचे पारार
वारो करता आडांगीपणा
मातयेर फू–करून फुंक मारीत
पीशीं कशीं हांसता
तांबडो गुंज म्हेळो जावन
भुतावळ कसो
सुस्तेल्या घरांचे पत्रे खडखडायता

गरमेच्या ह्या दिसांनी
दनपारचे पारार
वारो करता आडांगीपणा
गणयत अभ्यास करपी
बुरग्यां मुखार
पांना पुस्तकांची
बेठीच फडाफडा परतिता
नाडेपेन्ना करीत
भुरग्यांक बळयां
खेळुंक आफयता

गरमेच्या ह्या दिसांनी
दनपारच्या पारार
वारो करता आडांगीपणा
फू फू फुगडी घालून
सगळ्यांक सतयत
नाचुंक लागता

# आदार

तुजे सानपणात
जोंतें म्हजें
सारून पांयान
तुं भोंवतालो नेटान

व्हडपणाचो हाडून आव
तुजे बारीक नाकार
म्हजें वक्ल दवरून
दोनूय हात
घेवन फाटीर
भोवतालो झेतान

तेन्ना पुता
तुकां आमी
तोखेताली,
काळीज येतालें
भरून
आमका वारस
मेवळो म्हणून

पुण आता
तू व्हड जाला पुता
ह्या म्हज्या
झरील्या जोत्यांची
तुटील्या वकलांची
लज दिसता तुका

आमच्या थरथरत्या
हातांक आदार
दिवचे बदला
आमचे आयुष्यभराचे
जोडीचेर
हक्क सांगूक
तू आयला

आमचो तुजेर
राग ना पुता
पुण इतलेंच
दवर याद बाबा
फुडाराक आमी
दवरलो तितलो विश्वास
तुं तुज्या पुतार
दवरू नाका
आमी केलो
तितलो मोग
तुं तुजे पुतार
करू नाका

घडये आमका
भोगता तें फुडाराक
तुकांय भोगत
आमी फटवल्यात
तसो तुंय फटवत
आनी आपल्याच रक्तान
फटयल्याचे दुख
तुका सोसुंक
जावचे ना रे पुता

# अनोळखी वाट

आयुष्याची  वाट
अर्धी अधिक
जाली चलून
तरी दिसता
किद्याक म्हाका
वाट अनोळखी
वाटेवेल्या सुखःदुखान
जे जाले वाटेकरी
तेय किद्याक
दिसतात म्हाका
सामके परकी

ह्या अनोळखी वाटेर
कितलेशेच खीण
मोलादीक सांडल्यात
कुरवो लेगीत
जाल्यात नानापैत

हि अनोळखी
वाट म्हाका
व्हरता पैस
जंय अंत ना थंय
अज्ञात भंयाकडेंन
आनी हांवूय
पैसावता म्हजेचकडेंन

# अडगळ

सानपणाच्यान आयकत आयला हांव
पोन्ने सांबाळप अवचिन्न म्हणून
काळ सरता तसो वस्तु पोन्न्यो जातात
आनी मनीस?
तोय जाता न्हय जांणटो?
जांटेपण  अवचिन्न व्हय?
चितता तसो येता
शिरशिरो आंगार
म्हज्यांतलें 'हांव'
गचेक धरता म्हज्या
स्वाभिमानाच्या
जांटेपणात स्वाभिमान शेणटा व्हय?
तेन्ना मात जाप
येता काळजातल्या खोलायेतल्यान
मनीस वस्तु न्हंय

काळाच्या घगीन
भाजून करपून
परीस जाल्ले
ते मनश्याचे  जाणटेपण
कशें अवचिन्न थारत?
तजुर्ब्यान लखलखपी
जांटेपण  तर पात्र जावचें
सगळ्यांच्या मानाक

# फोग

आड फोग लायलो
म्हणून खोशी दोट्टी जाता व्हय?
फोगाचेर जायतसो म्होडून दुडू
खोशी विकती मेळटा व्हय?

पोटाक चिमटो काडून
जमयल्लो पै आडको
असो उज्या भकिक घालप
शाण्या मनशाचे पिशेपण न्हय?

ठाठो ठाठो आवाजान
कान भेरेंवन  घेवप
फोगाच्या कळकट दाट धूवरान
आपलेंच  हड्डें  फुगार करप
हो मनश्या तुजो विकतो न्याय न्हय?

आंगांतली मस्ती जिरोवंक
अंधाधुंद फोग मारप
जाणट्या नेणट्यांचे
शेजाऱ्या पाजाऱ्यांचे स्राप घेवप
ही मनश्या तुजी आसुरी खोशी न्हय?

मुक्या सैमांचे
तर कोणाक पडलां?
प्रदूषणान खिणा पाड्डिल्या सैमाचे
दुख मनश्या तुका केन्ना
दिसतलें व्हय?
मनश्या तू तुज्याखातीरच
केन्ना सुदरतलो व्हय?

# गांव म्हजो

सवण्यांच्या  शिळोण्यांनी आजून
जागो जाता म्हजो गांव
फातोड पारार ऊठपी जीवांक
मेळटा मागिर धादोस्काय
चिंवचिंव, फिंरफींर आनी
कोगुळाचें कुहू कुहू
आंग झाडीत गोबरतल्यान
उठ्ठा रान्नीपोनातले मनीमाऊ
सगिताच्या तालार दिता गांव
आजून सूर्यदेवाक येवकार

आजून गावांक म्हज्या
पदेराचे 'पोंक पोंक' जागयता
उंड्या पोळयेच्या घमघमाटान
गावची भूक चाळयता

नुस्ते जाय गे म्हणत आजून
नुसतेकान्न गांवांक सादयता
"खुटाणेचे नुस्ते आनी
पोडीतल्यो तिस्र्यो, खुबे
आजून ताटान मिरयता

गावच्या पोरसान आजून नाचता
थुय थुय मोरां भिरे
आजून चवरुन घमघमता
काजू, आमे, पणसा गरे

आजून बिया तोंडाक
पणसा गऱ्या भाकरी
मुट्टे माड्डोवन रसरशीत
आजून भाटयेन निऱ्या झरे
आजूनय गांवान चलता
बल्कावातल्यो गजाली
एकमेका सुख दुखान
आजून वाटो घेतात शेजारी

गांवकार म्हजे आजूनय
देवळा मुखार जमतात
धालो, फुगड्यो, भजना
आनी कीर्तनान रमतात
आयजूय देवळा मांडार
धोल ताशे वाजतात
आजूनय राखणदारा नावान
रोट सोरो घालतात
गड्या जात्रेक गडे पडून
देवचारा भारार नाचतात
आजूनय वाजता घाट
इगर्जीची गावान
आजूनय खेळीमेळीन रावतात
हिंदू-मुस्लिम-क्रिस्तांव

आधुनिकतेचे वारें ल्हवुच
म्हज्याय गावांत रिगुक लागला
बदलत म्हजो गांव म्हणून
हुस्को मनाक पिडूंक लागला

# गिरगिरें

पोटाक पेटील्ली
वात घेवन
गिरगिर भोवता
बाबडें गिरगिरें
हांगाथंय आंगणभर

झर झर फर फर
चर चर चर चर
तें लासता तितलो
जाता आमचेर
खोशयेचो शिवोर

पोटाक पेटील्लो
भुकेचो उजो
पालोवंक
गर गर भोवपी
आमीय गिरगिरींच

रात दिस
सकाळ सांज
गिरगिऱ्या वरीच
आगतिक जावन
सुखाच्या आशेक
पायांक चाकां लावन धांव

# घुस्मट

मातयेन घट्ट रिगिल्ली
गरगरीत मुळां घेंवन
आंगापांगान फोफ्फेल्लो
विशाल रुख आसलो जरी,
ताच्या सावले पोंदा
रोंप कशेंच पालवेंना
घुस्मटून वचत
वाढ खुंटुन
रोप जाता मातयेभरवण

आवय बापायच्या
हिस्पाभायर मोगाचीय
हीच अवतिकाय

# चितनांचें वादळ

घराच्या आंगणात
पावसाची खळखळ
वाऱ्याचो खवदळ
सैमाची गडखळ

मनात उसळ्या
चितनांचीं खळबळ
हातातून निसटून गेल्ल्या
भांगरा खिणांची तळमळ

पावसाची खळखळ थांबतली
वाऱ्याचो खवदळय थांबतलो
सैम जातलो शांत नितळ

उचांबळ मनातल्या घाव्याचे
मात निखळला  खवळ
कशी   थामोंवची
म्हज्या चितनांचीं खळबळ
सोपुल्या खिणांचीं तळमळ

# जनवर

मनीस सर्रास आत्महत्या करता
पुण तुमी केन्ना जनवरांन
आत्महत्या केल्याचें आयकलां?

केन्ना तांका मनशा बशेन
जेवण खाण सोडून
पैशा फाटल्यान धावताना पळयलां?

तांका तुमी मनशाच्या पावलार
पावलं दवरून सोऱ्या ड्रगसान लोळून
जीवाची वाट लायतना देखलां?

आनी हय, ते तुमकां मनशा बशेन
जातीचें, देवा धर्माचें राजकारण करुन
दुस्वासाचो खवदळ घालताना केन्ना दिसल्यात व्हय?

सोरोप लेगित ताका कोणी
दुखायल्या बगर
कोणाचेर डूख धरिना

पूण मनशांक केन्नाकेन्ना सुख लेगित तोपता
आनि ते दुसऱ्यांचेर काळजांतलो विखार ओकता
मागीर मनशां परस

जनवरांच बरीशीं दिसता न्हय?
तशे जाल्यार मनिसपण सोपील्या मनशाक

जनवराची उपमा कित्याक?
जनवरां बाबडीं मोनजात देखून?

# जिण

आमी जगपा खातीर जगतात
काय जिकपा खातीर
हाचोच प्रस्न पडटा खूप फावट
जीणेतल्या प्रत्येक गजालीन स्पर्धा
करत झगडत खुडत जगपाची सवय आमका

मनिस म्हणून जन्म घेतात
आनि गुतत वतात
सामाजिक क्लिष्ट व्यवस्थेन
केन्ना केन्ना मोगाळ
आपुलकेचो दिसताहो समाज
तर केन्ना केन्ना समाजाक बांधून दवरपी
आंकलनाच्या भायर आसपी
रिती रिवाज मनाक पटच ना

रूढी बदळुंक झगडपीय आसतात
तरिय भावानांक आवर घालून
घुसमटून मुखवटे घालून जगपीच
चड दिसतात

# जिवीत

कट कट किटी किटी
मारीच्या बोडावेल्या पाटूल्यातल्यान
सुटके खातीर बोवाळ घालपी तिसऱ्यो
कशोच वगी रावनात
पोटतिडकींन कड्डत
न्हय न्हयत्यो  गाळी सवतात मारीक

पुण खंयचे किंदे?
मारीक ताचें कांयच पडलेलें  ना
ताणे सदचे वरीं कानार केंस काडल्या
मोवाळ काळीज निबर केलां
आनी तें बोंबलेच्या देंठातल्यान आड्डत भोवता
“तिसऱ्यो जाय गे? ताज्ज्यो कटकटीत तिसऱ्यो? जाय?”

जाल्यार मागिर,
हो तर ताच्या भुरग्या बाळांच्या
पोट भरपाचो
तांच्या जीवन मरणाचो
तांच्या फुडाराचो  प्रस्न आसा न्हय?
खुळू खुळू वाजपी कमरेक खोयल्ली
पैशांची पोटली सांबाळीत
मारी आपल्या पाप भिरु
मनाक समजायत आड्डता
“तिसऱ्यो जाय गे? ताज्ज्यो कटकटीत तिसऱ्यो? जाय?”

# ज्वालामुखी

दोंगराचो मास्क पिंजून
भुंयेंच्या काळजांत खद्‌खद्‌पी
ज्वालामुखीचो उद्रेक जाताच

मागीर तोंडार बांदिल्लें
तें कपड्याचें बोतर
मनांतली खदखद
आडावंक शकता अशी
अनाठायी अपेक्षा करप
साप्प चुकीचें घातकी

सावध जायात,
हो मनात खद्‌खदपी
ज्वालामुखी चळवळ जावन
तुमची नश्टी धोरणां
तुमची दुश्ट्ट नाड्डेपेन्नां
आलटून पालटून उडोवपाची
जबरदस्त तांक दवरता

# **याद तुजी** (गझल)

आमोरे पारार भांगर तांबशी
किरणां मळबाक रंगोवन गेली
बळारींची माळ ती धवी
याद तुजी जागयत गेली

कुटुऱ्यो करपी रात ही अशी
मळब सगलें वेंगोवन गेली
नखेत्रांची टिमटिम ही रातीं
काळीज अशें पेटोवन गेली

चंद्रीम मळबात थतर वितर
कुशीर कुशी परतीत गेली
टप टप गळपी दुकां थेंब्याक
फांतोड दंव करीत गेली

# पशू

होळी,

तुवें केली
एका तनाची मनाची
एका फुलत्या कळीची
एका तरण्या जीवाची

अरे हैवाना
आतां तुका पश्चताप जांव
ना जांव
तुज्या ह्या करणेन
रक्त आटलां
मुड्डो जाला
खून जाला
एका निष्पाप हास्याचो

जग हे विसराळु अबुद्दी
माफ करतलें तुकां
हळूहळू
पुण ती  निष्पाप कळी
विसरून गेल्या केन्नाच,
तुंका, जगाक
आनी आपल्याकुय
ताचें घर गेलां
बुडून अपमानाच्या
काळखांन तुडुंब

तुजी  पश्च्यातापाचीं दुकां
पुसू शकची ना तो काळोख
कारण ह्या काळखाची म्हेढ
तुंवेच  जाणून बुजून पुरिल्ली
तुज्या क्षणिक सुखा खातीर

# पावस

पावसा तुका पळोवन
दोळे म्हजे न्हिवले
तुज्या थंडगार स्पर्शान
आंग चिंब भिजलें

भिजत भिजत
भिरकायत विचारांचे वजें
ल्हवपीक नाचत सुटले
मन जालें भुरगे

मनातले सुप्त गीत
सुर धरूंक लागले
सुरांच्या फुलांनी
जिवीत म्हजे फुल्ले

पावसा तुका पळोवन
दोळे म्हजे न्हिवले
तुज्या थंडगार स्पर्शान
आंग चिंब भिजलें

# फरक

बंदिस्त ॲर कंडिशन रुमांत
फोमाचे  गुबगुबीत गादयेर लोळप्यांक
रातभर भायर मळबांत जोगलावपी
जोगुल कितें आनी हुंवार येवन
घसघश्यांनी रकपी पावस कितें
तांका कांयच फरक पडना

रातभर गळटल्या नळ्यापोंदा
आयदना नाचयत आपलो
ओलो जाल्लो संसार सांबाळुन
पडत्या पावसांत पांयवाटे वयलो
चिखल जोत्यांनी माडडीत
सक्काळफुडें  धांवधांव करून येवपी
घरांतल्या वावराडेचे
जागरणान सुजिल्ले दोळे कितें
वा उतरांच्या जोगला मारान
वावराडेचें काळीज गडगडायत
तिच्या दोळ्यांतल्यान रकयल्लो
पावस कितें
तांकां कांयच फरक पडना

# फॅन

पंख्या म्हज्या भुरगेपणात
शेणान सारयल्या
मातयेच्या वंटीर
वायरीच्या जाळ्यांत
घुस्पल्लो तुजो प्लग
आसप म्हळ्यार
एक व्हडपणच
आशिल्ले घराक

कितली उमेद आशिल्ली
तुज्या  आसपांत
कितले कुतूहल
तुझ्या घुवपान तर

पुण पंख्या,
तुजें वारें
जशें आयलें
तशें सरत गेलें
ग्लोबल वॉर्मिंगाचो
परिणाम तुकाय
पडलो भोगचो
तुज्या ताकदीचेर
मात करीत
नव्या  नव्या
उपकरणांची
पडूंक लागल्या भर

पुण पंख्या
तुजी ओड
आजून जीवी आसा
मनश्याच्या मनान
आजुनय आसा
तुजे फॅन
जगभर

# ‘बो’ चो स्पेशल दिस

म्हयन्याच्या त्या निमण्या दिसांनी
तिचोय ‘दिस’ येता
तिचोच असो ‘खाशेलो दिस’
त्या दिसा तिच्या थरथरत्या हातांक
आदार दितात जायते हात
हरशी तिचें अस्तित्व विसरून गेल्लो तिचो पूत
उतरा उतरांक ‘कैंयंच’ करून
आंगार येवपी तिची सून
आंगार पाल पडिल्ल्यावरी
तिचो मायेचो हात शेवटून वडवपी तिचो नातू
आनी निमतां सांगित
तिची आवयघरा आयिल्ली धुव
सगळ्यांच्योच धोशी पडटात
तिका आदार दिवपाक
बँकेन वचून सरकारन तिचें खात्यार जमा केल्ले
तिचें मानधन काडपाक
धोशी पडटात तिच्या कपलावेलो घाम पुसपाक
धडपडटात तिच्या घडयेच्या कापडाचो पदर सारको करपाक
‘बो’ क जिण सार्थक जाल्यावरी दिसता
‘सरकाराक’ ती मनातल्यान पायां पडटा
पुण तिची ही आपुरबाय आयच्या दिसाची ‘स्पेशल’
ह्येय ती जाणा
फाल्यां ती सदचेवरी
आसतली घराचे पडवेन पिंरगत पडिल्ली
दोन गोटे पोटांत पडटात काय वाट पळयत
फूडल्या ‘त्या स्पेशल दिसाची’
आस मनान बाळगित

# माई

माई तुजो पितळी
पानाचो डबो
म्हणजे तुजे सर्वस्व
पाना, चुनो
कात, सुपारी, आड्कित्तो
आनी किदे कीदे
पैशे आनी केन्ना केन्ना
किडूक मिडूक भांगरुय
ह्या डब्यान अस्तावस्त
शिपडून सांबाळील्ले
तुझ्या सावळ्या तोणार
पान खावन काळपटलेले ओंठ
ही तुजी ओळख
भायली

तू सगळ्या आवया वरीच
हुसको, राग करपी
पुण कितली अलिप्त
संसारान रावून
सपनान रमील्ली
नितळ, सुंदर
मोगळ मनाची
ही तुजी ओळख खरी
भितल्ली

# मोल

जेन्ना तू वता देस परदेस,
तुज्या  घरा पासून
तुज्या गावापासून
पैस पैस
तेन्ना तुका कळटा मोल,
तुज्या स्वातंत्राचें
तुका स्वातंत्र मेळोवन दिल्ल्या
स्वातंत्र वीरांच्या बलिदानाचें
तुज्या गोंयचें

स्वातंत्राच्या घडामोडीच्यो
पावूल खुणो खिंणा खिंणाक
मनान जातात ताज्यो
आनी पैसूल्यानच
आपसूक जुळतात हात
यादीन मायभूंयेचे

# विद्रोह

गर्भारपणाचो भार सोशीत
भुकेन व्याकुळ
रावता ' ती' ऊबी
राांन्दचेकुडीच्या दारार

घरच्या दादल्याांची
जेवणाची पंगत
केन्ना उठटा काय म्हणून
वाट पळयत उपाशी पोटार

भुरको मारीत
सुशेगात चल्लिल्या
दादल्याांच्या गजालीनी
पंगत आयल्या नेटार

तांच्या ताटांतले
घमघमीत रुचिक जिन्नस
चाळयतात मागिर
चिड्डीतात किरमितात
तिच्या  भुकेचे सुस्कार

पुण 'पयली पंगत दादल्यांची'
ह्या रूढी  आड  तिच्या
गर्भातलो  जिव मात
आकांताचों तांडव करीत
विद्रोह करुंक जाला तयार

# विश्वास

चंद्र तू, सूर्या तू
गिरे, नकेत्रां तूंच तू
पावस तू, वादळ तू
डोंगर, झाडां
पाना, फुलां
तुंच तू
घसघसपी वजरो तू
लुवलुवपी शेत तू
फसफसपी दर्या तू
दर्यातले नुस्ते तू
तूच सैम, तूंच जीण
तूच मरण
जिणेन उजवाड घालपी तू
मर्णामेरेन साथ दिवपी तू
निराकार विश्वव्यापी
शक्ती तू
म्हजो विश्वास
ह्या 'तू" चेर

# शॉक ट्रीटमेंट

कुलूपबंद काळजाभीतर
सुगूर आशिल्या आत्म्याक
जेन्ना मर्ण खेटून वता
त्या खिणाक त्या मनश्याची
अवतीकाय पळोवची

देवा चुरचुरे कर म्हजे
आनी व्हर म्हाका
म्हणून सदा काळ
देवाक शिणपी तो
असंतुष्ट आत्मो लेगीत
ह्या खिणाक भयान झेलपट्टा
सरसरीत काटो उबो रावता ताच्या आंगार

जिणेकडे बेफिकीर रावपी
अहंमची लागण जाल्ल्या
आमकां जाग्यार हाडपाक
जिणेचो सन्मान करपाक शिकोवपाक
केन्ना केन्ना देवान दील्ली
ही शॉक ट्रीटमेंट
बिन न्हय नी?

# हांव

म्हज्या दाव्यान उजव्यान देव
देवूच देव म्हज्या देवाऱ्यान
देव म्हज्या सपनान
देव म्हज्या आंगणान
देव म्हज्या नावान
देव म्हज्या भोवतणी निराकार

पुण म्हज्या काळजान
कोण बसला झेतान
वळखीचोसो चेरो ताचो
ताच्या म्हज्या रूपान
खुपशे साम्य दिसपान
हय, हांवूच तो
हांव! अहंमः अहंकारी

# झुजाचें व्हारें

मोळबांत कुपां दांटून आयल्यांत
काळिकूट भिरांकूळ विश्व झुजांची
प्रतिशोद धुम्सुंक लागला
भुंयेवेल्या देसांभितर
जाग्या खातीर, धर्मा खातीर, तेला खातीर
उदका खातीर, मोतेपणा खातीर, इसटागाती खातीर
दुस्मानपणां वाडतात

बोंब उडवन केदना कर्तेल्ये उध्वसत
देश देशांक सांगुंक न्हजो
आयज सुखान जियेतले सांगुंक जायना
केन्ना जातले रेफयूजी
घरदार संसार सनोवन बसलेले
केन्ना काय संप्तलो खेळ ह्या झुजांचो?
केन्ना काय मनीस शाणो जातलो?
केन्ना काय देशाभितर संबंध सुधार्तलो?
म्हज्या इश्टान हुसको उक्तयलो

तो खरेंच मनातल्यान उलयतालो
म्हाकाय हुसको जात परिसतितेचो
म्हण हांवें मनानच ताका म्हंटलें
तूं तुज्या पर्क्या धर्मान काजार जाल्या
पुताक माफ कर्तलो तेन्ना
तूं तुज्या शेजारयांकडे चिमटिभर जाग्याखातीर
झग्गडचो ना तेन्ना
तुज्या धरन भुकेन उभ्या आसलेल्या
भिकारीक हीस-फीस कर्चोना तेन्ना
असतूऱ्येक सोन्मान दितेलो तेन्ना
तुज्या गांवान आयिल्ल्या पर्क्याक आपले म्हणतेलो तेन्ना
झुजाचें हें व्हारें एका तुज्या कोडल्यान देशा कोडे वावता
तें तूं बंद करुंक समजुकायेची भुमिका घेतेलो तेन्ना

# आशावादी प्रकाशन

AP

यदाहं जीवमि, अहमाशंसे